# राज्यपालाकडल्यान गोंयच्या लाकांक स्वातंत्र्य दिसानिमतान परबीं

ता. 14 ऑगस्ट 2022

राज्यपाल श्री. पी. एस. श्रीधरन पिल्लई हांणी गोंयच्या लोकांक भारतीय स्वातंत्र्य दिसाची परबीं भेटयल्या. राज्यपाल आपल्या संदेशात म्हणटा, भारतीय स्वातंत्रतायेच्या 75 व्या वर्धापन दिसाच्या ह्या भव्य आनी किर्तवंत अशा उमेदीच्या प्रसंगार हांव तुमकां सगळयांक म्हजी मनाकाळजासावन उर्बेभरीत परबीं आनी शुभकामनां भेटयता. सगळयात पयली ह्या दिसा आमी आमकां स्वातंत्र्य दिवपा खातीर आपल्या जीणेचो त्याग केल्ल्या आमच्या सगळयां म्हान स्वातंत्र्य सैनिकांचो उगडास करूया. आयज आमी ह्या पराक्रमी आत्म्यांक नमन करूया. तशेंच सामाजिक आनी आर्थिक न्यायाखातीर भारतीय लोकांक संविधान दिल्ल्याप्रती आमी कृतज्ञताय उक्तावया. आयच्या ह्या इतिहासीक प्रसंगार हांव आमच्या सैन्य दळांक नमन करता, जी आमचे स्वातंत्र्य आनी राष्ट्राच्या  अखंडतायेचे देशभक्ती, समर्पित भावना आनी पराक्रमान राखण करतात.

भारत स्वातंत्र्याचे हे 75 वे वर्स आमी  “आजादी का अमृत महोत्सव” म्हुण मनयतात आनी ते आमी समाजाच्या सगळयां वर्गातल्या लोकांच्या सहभागान स्वातंत्र्य चळवळ, देशाची प्रगती, आजादी का अमृत महोत्सव अशा संकल्पनांचेर  विंगड विंगड कार्यक्रमाचे आयोजन करून देशभर मनयतात. प्रधानमंत्र्यानी हालीच आपल्या संदेशावरवीं भारत देशातल्या लोकांक स्वातंत्र्य सैनिकांच्या सपनातलो भारत निर्माण करपाचो उलो मारला. फुडल्या  25 वर्सांत अमृत काळाचे उद्दीश्ट साध्य करपा खातीर तांणी कर्तव्य काळ अशें संबोधून लोकांक पुराय समर्पित भावनेन आपले कर्तव्य निभावपाचो उलो मारला.

फाटल्या 75 वर्साचो कार्यकाळ असामान्य आनी साबार घडणूकांचो आसा. आमी जीणेच्या सगळयां मळार जांव मागीर ते शेती उत्पादन, उद्देगीक वाड, भलायकी, शिक्षण, अणू ऊर्जा, अंतरिक्ष तंत्रज्ञान, म्हायती तंत्रज्ञान, स्टार्टअपाच्या बाबतीत भरीव प्रगती केल्या. आमची अर्थवेवस्था मजबूत जाल्ली आसा. खास करून फाटल्या 8 वर्सांच्या काळांत देशाच्या प्रशासनात बदल , सुदारणा आनी प्रगती जाल्ली पळोवक मेळटा. खास करून देशांत जाल्ली डिजिटल प्रगती तोखणायेची आसा. आनी ह्या सगळया खातीर प्रधानमंत्री श्री. नरेंद्र मोदी हांच्या गतीमान आनी धिटायेच्या नेतृत्वाक सलाम. खऱ्यानीच हो काळ देशाच्या इतिहासातलो प्रगती आनी विकासाचो काळ जावन आसा.

तोखणायेची गजाल म्हळयार आमी कोवीड-19 म्हामारीच्या संकटाआड यशस्वीपणान लढो दिलो. भारतान वासिनीकरणाचो आकडो 200 कोटी पुर्ण केला. आमच्या तज्ञ संशोधकांनी सतत प्रयत्न करून कोवीड-19 म्हामारीआड वासीन तयार केले आनी प्रधानमंत्र्यानी मारिल्लो आत्मनिर्भर भारताचो उलो पुर्ण केलो. देशान कोवीड-19 म्हामारीआड यशस्वीपणान दिल्लो लढो आनी आमचे शास्त्रज्ञ, दोतोर आनी भलायकी कार्मचाऱ्यांच्या समर्पित सेवेची सगळया संवसारान

तोखणाय केल्या. ही गजाल आमकां सगळयांखातीर अभिमानाची गजाल आसा. कोवीड-19 म्हामारीच्या लढ्यातले सगळया लोकांचे आनी राज्यांचे सहकार्य आनी आदार हे भारत देशाच्या संधटीत आनी गतीमान लोकशाय प्रशासनाच्या मजबूतीचे उदाहरण आसा. गोंयांत कोवीड म्हामारीची परिस्थिती बरें तरेंन हाताळली. पात्र नागरिकांक डब्बल कोवीड डोज दिवपाचे काम पुर्ण जाला. राज्य सरकारान आता सुमार 10 लाख लोकांक बुस्टर डोज दिवपाचेर लक्ष केंद्रीत केला. हांव ह्या प्रसंगार सगळया पात्र लोकांक उलो मारता की तांणी जाता तीतले बेगीन लागीच्या भलायकी केंद्रार वचून बुस्टर डोज घेवचो.

फाटल्या एका वर्सात गोंयांत दोन वेंचणूको जाल्यो. नवें सरकार वेंचपाखातीर मार्चात विधानसभा वेंचणूक जाली आनी कांय दिसां पयली ग्रामपंचायत वेंचणूक जाली. ह्यो दोनीय वेंचणूको मुक्त, सुरक्षीत आनी शांतीकायेच्या वातावरणात घेतिल्लेखातीर हांव भारतीय वेंचणूक आयोग आनी राज्य वेंचणूक आयोगाची तोखणाय करता.

गोंय राज्य मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांच्या कुशळ फुडारपणाखाला उदरगतीची पावलां फुडें मारीत आसा. राज्य सरकार केंद्र सरकार येवजणांची यशस्वीपणान अंमलबजावणी करपा वांगडाच गोंय लोकांच्या कल्याणाखातीर साबार येवजणो आनी उपक्रम राबयता. per capita income बाबतीत गोंयचे उचेले स्थान कायम आसा. अन्न सुरक्षेच्या बाबतीत गोंय सतत चार वर्सा उत्कृश्ट राज्य जावन आसा. तशेंच शाश्वत विकासाच्या बाबतीत राज्य चौथ्या क्रमाकाचेर आसा. नितळ उदक, नितळसाण आनी परवडपी नितळ ऊर्जेचे उद्दीश्ट साध्य केला. NITI आयोगाच्या नियाळात राज्याक 5 वे स्थान फावो जाला. गोंयान फाटले वर्स मुक्तीचे 60 वे वर्स मनयले. प्रधानमंत्र्यानी गोंयच्या लोकांनी केल्ल्या प्रगतीची तोखणाय केल्ली आसा.

गोंयान "स्वयंपुर्ण गोंय" मोहिम सुरू करून आत्मनिर्भरतेचेर भर दिला. सरकारान कल्याणकारी येवजणांची अंमलबजावणी करपा वांगडाच रोजगार निर्माण करपाक कुशळटाय विकास आनी युवा उद्देजकाक स्टार्टअप सुरू करपाक प्रोत्साहन दितात. सरकारान उदका पुरवण, नितळसाण, वीज, रस्ते, पुल आनी हेर साधनसुविधांच्या मळार बरो विकास केला. नवो जुवारी पूल, मोपा विमानतळ ह्या सारखे म्हत्वाचे प्रकल्प पुर्ण जावपाच्या वाटेर आसा आनी तांचे रोखडेच उक्तावण जातले.

गोंयांक सैमिक सोबीतकाय, समृध्द जीवसृश्ट आनी संस्कृताय, शांतीकाय आनी सलोखो लाभिल्लो आसा. गोंय संवसारभरांतल्या असंख्य पर्यटकांचे आकर्शण आसा. सरकारान सैम पर्यटनाचेर भर दिल्लो आसा. सैम पर्यटनातल्यान पर्यावरणाचो सांबाळ करपावांगडाच रोजगाराच्यो संदी निर्माण जातल्यो.

आयज पुराय देश भारतीय स्वातंत्र्याच्या 75 व्या वर्साचो उत्सव मनयता आसतना आमकां प्रगतीची आनीक उचेली तेंगशी गाठपाची आसा हे आमी विसरपाक जायना. आमी आमच्या घटनेचेर विश्वास दवरपाक जाय. अमृत काळ आनी आत्मनिर्भर भारताचे सपन पुर्ण करपाक सबका साथ, सबका विकास, सबका विश्वास, सबका प्रयास ह्या भावनेतल्यान आमी सगळ्यानी समर्पितपणान एकवटान काम करपाचो सोपूत घेवया.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/474

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji